वर्सः 11 अंकः 19 (जुलय 2023 ते डिसेंबर 2023)
वर्सः 12 अंकः 20 (जानेवारी 2024 ते जून 2024)
UGC CARE LISTED

# अनन्य

गोवा कोंकणी अकादेमीची स म्हयन्याळी संशोधन पत्रिका

प्रकाशकः सचीव, गोवा कोंकणी अकादेमी

मुखेल संपादक
**प्रो. (डॉ.) राजय पवार**

संपादक
**वसंत भगवंत सावंत**
(प्रभारी अध्यक्ष)

संपादक
**दत्तराज नायक**
(संशोधन सहाय्यक)

संपादक मंडळ
**पराग म. नगर्सेकर**
(सचीव, गोवा कोंकणी अकादेमी)
**गोपिनाथ गांवस**
(कार्यकारी मंडळाचे वांगडी)

स म्हयन्याळी संशोधन पत्रिका

# अनन्य

वर्सः 11 अंकः 19 (जुलय 2023 ते डिसेंबर 2023)
वर्सः 12 अंकः 20 (जानेवारी 2024 ते जून 2024)
**UGC CARE LISTED**

प्रकाशकः सचीव, गोवा कोंकणी अकादेमी

संपादकीय कार्यालयः
गोवा कोंकणी अकादेमी, 5वो माळो, गोवा संचार भवन,
बी. एस. एन. एल. बिल्डींग, पाटो, पणजी-गोंय.
मोबायलः 7775891857
E-mail: konkaniakademi@gmail.com

© **सर्वाधिकार सुरक्षीत**

मुखेल संपादकः
**प्रो. (डॉ.) राजय पवार**

संपादकः
**वसंत भगवंत सावंत** (प्रभारी अध्यक्ष)
**दत्तराज नायक** (संशोधन सहाय्यक)

संपादक मंडळः
**पराग म. नगर्सेकर** (सचीव, गोवा कोंकणी अकादेमी)
**गोपिनाथ गांवस** (कार्यकारी मंडळाचे वांगडी)

मुखचित्र : **सक्षम प. नगर्सेकर**

टायपसेटरः **रिया ग्राफिक्स,** पोरणें गोंय

छापणावळः **लोकमान्य प्रोसेस,** खोर्ली, तिसवाडी

**मोल रु. 80/-**

**ANANYA:**
(A Six Monthly Research Journal in Konkani)
Vol: 11 (July 2023 - December 2023)
Vol: 12, No. : 20 (January 2024 - June 2024)
**UGC CARE LISTED**
Goa Konkani Akademi, 5th Floor, B.S.N.L. bldg.,
Patto Plaza, Panaji Goa-403001

(अंकांतलीं मतां त्या त्या लेखकांचीं, त्या मतां कडेन गोवा कोंकणी अकादेमी सहमत आसतलीच अशें ना.)

# अनन्य

गोवा कोंकणी अकादेमीची स म्हयन्याळी संशोधन पत्रिका

UGC CARE LISTED

वर्सः 12 अंकः 20

(जानेवारी 2024 ते जून 2024)

## मांडावळ


| | | |
|---|---|---|
| **प्रा. कृपाली नायक** आनी **डॉ. प्रकाश पर्येंकार** | वेंचीक कोंकणी नाटकांत चित्रीत भोवजन समाजः राजकीय दृश्टीकोणांतल्यान केल्ली चिकित्सा | 115 |
| **डॉ. दुर्गेश चंद्रकांत माजिक** | लोकनाट्य 'रणमालें'ची स्वरूप मांडणी | 127 |
| **प्रा. सिल्वेस्टर वाज** आनी **प्रो. (डॉ) प्रकाश वजरीकार :** | लोकरंगमाचयेचो विकास (भारतीय लोकरंगमाचयेच्या संदर्भांत) | 139 |
| **प्रा. ग्लिनीस डायस** | देविदास कदम हाचे कादंबरेंतली लोकजीणः 'गांठवल' कादंबरेच्या संदर्भांतली चिकित्सा | 147 |
| **डॉ. मिलिंद म्हामल** आनी **गौरव जल्मी** | कोंकणी नेमाळ्यांची वळेरी (1889 ते 2023) | 155 |
| **शुभा वेलिंगकर** | महारथी कर्ण आनी कानीन कुंवरः एक चिकित्सक अभ्यास | 177 |
| **गौरांग बाबुराव भांडीये** | विष्णू सुर्या वाघ हांच्या 'सुंवारी' नाटकांतल्या 'आजेंत कॉश्त' ह्या पात्राचो अभ्यास | 187 |
| **रजत अ. हेगडे** | प्राणाचार्य दादा वैद्य हांचें शिक्षण क्षेत्रांत योगदान | 198 |

# कोंकणी नेमाळ्यांची वळेरी (1889 ते 2023)

**डॉ. मिलिंद म्हामल**
ग्रंथालय आनी म्हायतीशास्त्र विभाग, गोंय विद्यापीठ
milind.mhamal@unigoa.ac.in
**गौरव जल्मी**
खाजनवाडो, वेलिंग, म्हाड्डोळ, फोंडें गोंय

**सारांश:**

*नित्य नेमान प्रकाशीत जावपी, स्वताचें खाशेलें शिर्शक आशिल्लें माळेचें प्रकाशन म्हळ्यार नेमाळें. उजवाडाक येवपी काळा प्रमाण दिसाळें, सातोळें, पंद्रशीं, म्हयनाळें, दु-म्हयनाळें, ति-म्हयनाळें, अर्द वर्सुकी, आनी वर्सुकी असो नेमाळ्यांचो प्रकार आसा. 1889 ह्या वर्सा महाराष्टांतल्या पुणे शारांत 'उदेंतेचें साळक' हें कोंकणींतलें पयलें नेमाळें उजवाडाक आयलें. तें उपरांत आयज मेरेन 260 नेमाळीं उजवाडाक आयलीं. गोंय तशेंच मंगळूर, कारवार, कोच्ची, मुंबय, पुणे आनी हेर शारांतल्यान कोंकणी नेमाळीं उजवाडाक आयल्यात. रोमी, देवनागरी, कानडी, आनी मलयालम लिपींतल्यान कोंकणी नेमाळीं उजवाडाक येतात. भोवतेक कोंकणी नेमाळीं भोवभाशीक आसात.*

**साररूपी उतरां:**

*कोंकणी भास, कोंकणी नेमाळीं, कोंकणी लिपी, नेमाळ्यांची वळेरी.*

## विशय प्रवेश

नित्य नेमान प्रकाशीत जावपी, स्वताचें खाशेलें शीर्शक आशिल्लें माळेचें प्रकाशन

म्हळ्यार नेमाळें. सादारणपणान नेमान सांगिल्ल्या अंतराचेर एक वर्सा परस उण्या वेळांत तीं उजवाडाक येतात. दरेक अंक स्वता पुराय आसलो तरी आदल्या अंकां कडेन ताचो संबंद गणने वरवीं दाखयतात, चड करून अंक क्रमांक आनी खंड क्रमांक फुडल्या कव्हराचेर छापतात. आशयाचेर संपादक वा संपादक मंडळाचें नियंत्रण आसता. ह्या वर्गांत वार्तापत्रां, दिसाळीं, म्हयनाळी, जर्नलांचो आसपाव जाता. ह्या प्रकाशनांत शिक्षणीक, संशोधन, तंत्रीक, वेपारी, सामान्य ज्ञान, आनी मनरिजवण अशे विंगड विंगड विशय आसपावतात. व्यक्ती, विद्वान संस्था, साहित्य संस्था, विद्यापिठाचो प्रेस, वेपारी आनी वेवसायीक संघटना, सरकारी एजन्सी, वेपारी प्रकाशक आनी बिन-सरकारी संघटना हांचे कडल्यान नेमाळीं उजवाडाक येतात. (Reitz, 2004) उजवाडाक येवपी काळा प्रमाण दिसाळें, सातोळें, पंद्रशीं, म्हयनाळें, दु-म्हयनाळें, ति-म्हयनाळें, अर्द वर्सुकी आनी वर्सुकी अशें नेमाळ्यांचें प्रकार आसपाक शकतात. इतिहासीक नदरेन पळयल्यार नेमाळ्यांनी देशांतल्या लोकशाय वेवस्थेचो एक घटक म्हूण काम केलां आनी राष्ट्रनिर्माण प्रक्रियेंत व्हड योगदान दिलां. (Registrar of Newspapers for India, 2023)

वाचप्यां मदीं प्रादेशिक भाशेच्या प्रकाशनां कडेन व्हड संबंद आसा अशें आंकडेवारींतल्यान दिसून येता, आनी देखूनच अशीं प्रकाशनां हेर शारांनी जंय ती भास उलोवपी लोकांची व्हड प्रमाणांत लोकसंख्या आसा थंय आवृत्त्यो छापपाचें साहस करतात. भारतांत रजिस्ट्रार ऑफ न्युजपेपर फॉर इंडिया (आरएनआय) दर वर्सा देशांतल्या नेमाळ्यांचो अहवाल सादर करता. प्रेस आनी रजिस्ट्रेशन ऑफ द बुक्स एक्ट, 1867 च्या कलम 19(डी) च्या त तरतुदी प्रमाण सगळ्या नोंदणीकृत प्रकाशनांचो (दिसाळीं आनी नियतकालीक) प्रकाशकांनी आपलें वर्सुकी विवरण भारताच्या दिसाळ्यांच्या निबंधकाक सादर करचें पडटा. ताचोच आदार घेवन आरएनआय हो अहवाल तयार करता. पूण सगळे प्रकाशक आरएनआय कडेन वर्सुकी विवरण दाखल करपाचें कायदेशीर बंधन पुराय करपाक रूची घेनात. तशेंच देशांत उजवाडावपाक येवपी सगळींच नेमाळीं रजिस्टर नासतात. 2021-22 वर्सा 146045 नेमाळ्या पैकी फकत 23.38 प्रकाशकांनी आपलो अहवाल सादर केलो. ह्या अहवाला प्रमाण हिंदी नेमाळ्यांची संख्या (16793) पयल्या क्रमांकाचेर आसा, ते उपरांत मराठी (2807), इंग्लीश (2485), तेलगू (2248), गुजराथी (2048), उर्दु (1701), कानडी (1300) आनी हेर नेमाळ्यांचो क्रम लागता. तातूंत फकत 4 कोंकणी नेमाळीं आसात. हो अहवाल फकत रजिस्टर नेमाळ्यांचो आशिल्ल्यान भारतांत उजवाडावपाक येवपी नेमाळ्यांची प्रत्यक्ष संख्या तीन पटीन

अदीक आसपाक शकता. (Registrar of Newspapers for India, 2023)

भारताच्या कोंकण वा मलबार तडीर, एकेच तरेच्या सैमीक भोंवतणांत, कोंकणी उलोवपी लोक कितलींशींच वर्सां रावतात. पुराय गोंय, केरळांतलो कोच्ची कडलो वाठार, कर्नाटकांत दक्षिणे कडचो मंगळूरचो वाठार, उत्तरे कडेन कारवारचो वाठार आनी महाराष्ट्रांत मुंबय आनी हेर कडेन कोंकणी लोक विखरून पडिल्ले आसात. (नायक र. न., 1980) भुगोलीक आनी राजकी कारणा खातीर कोंकणी भास देवनागरी, रोमी, कानडी, मलयाळम, आनी अरबी/फारसी लिपींनीं बरयतात. भारताक 15 ऑगस्ट 1947 दिसा स्वतंत्र मेळ्ळें तरी पुर्तुगेजां कडल्यान गोंयची मुक्ती 19 डिसेंबर 1961 ह्या दिसा जाली. कोंकणी भाशेक भावनीक रितीन जोडल्ल्यार 16 जानेर 1967 दिसा मेळिल्ली गोंयची वेगळी राजकीय अस्मिताय, 1975 वर्सा कोंकणीक साहित्य अकादेमीन दिल्ली मान्यताय, 1987 वर्सा कोंकणीक राजभास म्हण दिल्ली मान्यताय आनी 1992 वर्सा भारतीय संविधानाच्या आठव्या वळेरेंत कोंकणी भाशेचो आसपाव ही कोंकणीची उदरगत म्हणपाक जाता. (Rodrigues, 2013)

## संशोधन हेतू

1889 ह्या वर्सा महाराष्ट्रांतल्या पुणे शारांत 'उदेंतेचें साळक' हें कोंकणींतलें पयलें नेमाळें उजवाडाक आयलें. तें उपरांत आयज मेरेन 260 नेमाळीं उजवाडाक आयलीं. कोंकणी भास आनी साहित्याचो अभ्यास करताना कोंकणी नेमाळीं म्हत्त्वाचीं आसात. पूण आजून मेरेन सगल्या नेमाळ्यांची वळेरी जाल्ली ना. अभ्यासकांक कोंकणी नेमाळ्यांचो उपेग जांवचो ह्या हेतून तांची शास्त्रीय पद्दतीन वळेरी करून तांचे विश्लेशण केला.

## संशोधन आनी कोंकणी नेमाळ्यांची वळेरी करपाची संशोधन पद्दत

सुर्वेक कोंकणी नेमाळ्या संबंदान प्रकाशीत म्हायतीचो सोद घेतलो. ते उपरांत गोंयच्या म्हत्त्वाच्या ग्रंथालयांत वचून प्रत्यक्ष नेमाळीं हाताळून धांवते वाचप केलें आनी म्हायतीचें संचयन केलें. ते उपरांत मायक्रोसॉफ्ट एक्सेलचो उपेग करून वळेरी आनी तकटे तयार केले. नेमाळ्यांची वळेरी अ ते ज्ञ क्रमा नुसार आसा. सुर्वेक नेमाळ्याचें नांव पालशा अक्षरांत दिलां. ते उपरांत नेमाळ्यांचो प्रकार, नेमिल्लो काळ, प्रकाशन वर्स, प्रकाशक, आनी संपादकाचे नांव दिलां. एकाच नेमाळ्यांचे संपादक एका परस अदीक आशिल्ल्यान भोवतेक जाग्यार पयल्या वा चालंत संपादकाचें नांव दिलां. त्या उपरांत कंसात लिपीचो

तशेंच हेर भाशेचो उल्लेख केला. कांय कडेन कंसांत नेमाळ्याची विशेश म्हायती दिल्या. कोंकणींत उजवाडाक आयिल्लीं कांय नेमाळीं आयज खंयच्याच ग्रंथालयांत मेळानात. तांची म्हायती छापील ग्रंथाचेर आदारीत आसा. ते खातीर कांय नेमाळ्यांची म्हायती अपुर्ण आसपाक शकता.

## साहित्य नियाळ

कोंकणी परिशदेचे तिसरे बसकेंत शणै गोंयबाबान केल्ल्या भाशणांत 52 नेमाळ्यांचा उल्लेख आसा. तातूंत 3 दिसाळीं, 29 साताळीं, 5 पंद्रशी, 13 म्हयनाळीं आनी 2 ति-म्हयनाळ्यांचो आसपाव जाता. तातूंतलीं 13 नेमाळीं तो मेरेन चालू (1942) चलतालीं. (शणै वर्दे वालावलिकार, 1942) भौ. फ्रान्सिस जॉन मातीरिस आनी भौ. जो आकी आंतोनी फेर्नांदिस हांणी 1889-1941 ह्या काळांत उजवाड आयिल्ल्या नेमाळ्यांची सविस्तर यादी केल्या. (वर्दे वालावलिकार, 2003) मनोहर सरदेसाय हांच्या पुस्तकांत कोंकणी नेमाळ्या संबंदान विशेश लेख आसा. (Sardessai, 2000) नागेश करमली हांणी कोंकणी नेमाळ्यांचो नियाळ करतना त्या फाटली इतिहासीक फाटभूंय सांगल्या. (करमली, 2003) जे. बी. मोरायश हांणी कोंकणी नेमाळ्यांचो इतिहास कथन केला. गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळांत उजवाडाक येवपी नेमाळ्यांचो उल्लेख करताना तांची उदयाक तशेंच बंद पडपाची कारणाय सांगल्यात. (Moraes, 2007) संदेश प्रभुदेसाय हांणी कोंकणी साहित्यांत नेमाळ्यांचें योगदान विशद करतना कांय कोंकणी नेमाळ्यांचो उल्लेख केला. (Prabhudesai, 2019) गोवा कोंकणी अकादेमीच्या वेबसायटीर 33 कोंकणी नेमाळ्यांची वळेरी पळोवपाक मेळटा. (Goa Konkani Akademi, 2023) अशें आसलें तरी ह्या सगल्या साहित्यांत कोंकणी नेमाळ्यांचें फकत धांवतें वर्णन दिसता, शास्त्रशुद्ध कोंकणी नेमाळ्यांची वळेरी खंयचकडेन दिसाना.

## कोंकणी नेमाळ्यांची वळेरी

1. अ ट्रिबून. सातोळें (1920- ). मुंबय.- सं. आंतोनियो डिसोजा प्रोयांका (रोमी, पुर्तुगेज)
2. अ लूआ. सातोळें (1892- ). मुंबय.- (रोमी, पुर्तुगेज)
3. अ लूज. सातोळें (1895- ). मुंबय.- सं. लोरेन्सिस दांतस (रोमी, पुर्तुगेज)
4. अ सिविलिझाकांव इंडियानो. सातोळें (1894). पणजी गोंय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)

5. अंकूर. वर्सुकी (1965- ). गोंय.- सं. अमृत कांसार. (देवनागरी)
6. अक्षय. म्हयनाळें (1987- ). अक्षय प्रकाशन, वळवय गोंय.- सं. प्रकाश द. नायक. (देवनागरी)
7. अनन्य. अर्द-वर्सुकी (जुलै-डिसेंबर 2014- ). गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी गोंय.- सं. डॉ. जयंती नायक. (देवनागरी)
8. अपरांतक. म्हयनाळें (2004- ) परा प्रतिमा प्रकाशन, तुये पेडणें गोंय.- सं. बाळकृष्णजी कांदोळकार. (देवनागरी, मराठी)
9. अपुरबाय. म्हयनाळें (1964- ). सोबित साहित्य प्रकाशन, पणजी गोंय.- सं. गुरूदास पै. (देवनागरी)
10. अमर कोंकणी. अर्ध-वर्सुकी (1981- ). इंस्टिट्यूट ऑफ कोंकणी, सेन्ट एलोसिअस कॉलेज प्रकाशन, मंगळूर कर्नाटक.- सं. व्ही. जे. पी. सालढाणा. (कानडी, देवनागरी)
11. आग्नूस देयी. म्हयनाळें (1930- ) मुंबय.- सं. फादर आलारीक परैर. (रोमी, इंग्लीश)
12. आझाद गोवें. पंद्रशी (1953- ). मुंबय. सं. टि. बी. कुन्हा (रोमी)
13. आमची माई. म्हयनाळें (1949- ). मंगळूर.- (कानडी)
14. आमचें गोंय. पंद्रशी (1947-1949- ). मुंबय.- सं. बा. भ. बोरकार. (देवनागरी)
15. आमचें गोंय. वर्सुकी (1980- ). गोवा पब्लिकेशन, पणजी गोंय.- सं. चंद्रकांत केणी, अनील पै. (देवनागरी)
16. आमचें गोवा. सातोळें (2014- ). गोंय.- सं. स्टेनली वाझ (रोमी)
17. आमचो आवाज. सातोळें (2 मार्च 2014- ). प्रकाशन, गोंय.- सं. तोमाझीन कार्दोज. (रोमी)
18. आमचो गांव. म्हयनाळें (1919-1953). पणजी गोंय.- (रोमी) (डायरीओ दि नोयते ह्या पुर्तुगेज म्हयनाळ्यांतली कोंकणी पुरवणी)
19. आमचो संदेश. म्हयनाळें (1994- ). कॅथॉलिक सभा, मंगळूर, कर्नाटक.- (कानडी)
20. आमचो संवसार. सातोळें (1927- ). मुंबय. सं. जुजे कायतान फ्रान्सिस दे सौज (रोमी)
21. आमचो संवसार. सातोळें (1938- ). मुंबय.- सं. येर आर परैर. (रोमी)

22. आमचो सेवाधर्म. ति-म्हयनाळें (1978- ). कॅथॉलिक सभा, मंगळूर, कर्नाटक. (रोमी)
23. आमी पिकेन. म्हयनाळें (2008- ). सुनापरान्त, पणजी गोंय. (देवनागरी)
24. आयचो सोविएत युनियन. म्हयनाळें (1979- ). सोविएत वकिलात, मुंबय. (देवनागरी)
25. आयतारचें वाचप. सातोळें (1946-1956). पणजी गोंय.- (रोमी)
26. आरसो. पंद्रशी (2013- ). मंगळूर.- सं. हेन्री मेनडोन्का. (कानडी)
27. आवय. सातोळें (1934- ). मुंबय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
28. आवे मारी. म्हयनाळें (1919- ). मुंबय.- सं. आन्तोनिओ विन्सेत दी कृझ (रोमी)
29. इमिग्रान्ट. (म्हयनाळें) (1934- ). मुंबय.- सं. इनासिओ कायतानो कार्वालो (रोमी)
30. इम्म्याकुलेट मॅरिस स्टेप्स. म्हयनाळें (1997- ). इम्म्याकुलेट कन्सेप्शन चर्च, पणजी गोंय. (रोमी, इंग्लीश)
31. उजवाड. दिसाळें (15 ऑगस्ट 1970- ). गोमंतक प्रायव्हेट लिमिटेड, पणजी गोंय.- (रोमी)
32. उजवाड. पंद्रशी (1929- ). मंगळूर.- (कानडी)
33. उजवाड. पंद्रशी (2015- ). दीपा ट्रस्ट, उडिपी, कर्नाटक. (कानडी)
34. उजवाड. म्हयनाळें (1970- ). गोंय.- स. एवाग्रिवो जॉर्ज. (रोमी)
35. उजवाड. म्हयनाळें (1998- ). बेळगांव कर्नाटक.- सं. लुईस रॉड्रिक्स. (देवनागरी)
36. उजवाड. सातोळें (1950- ). नैरोबी, केनया (रोमी)
37. उजवाडा किर्णा. वर्सुकी (1977- ).- गोंय.- फातिमा डिसोजा. (रोमी)
38. उजो. सातोळें (1965- ) स्वस्तिक प्रिन्टींग प्रेस, बेळगांव. सं. श्री जगदीशराव (देवनागरी)
39. उदेंत. ति-म्हयनाळें (1980- ). प्रोग्रेसीव स्टुडन्ट युनियन, पणजी गोंय. (देवनागरी)
40. उदेंतेचें नकेत्र. म्हयनाळें (1949- ). मुंबय.- मौ. आयरिश फर्नांडीस. (रोमी)
41. उदेंतेचें साळक. म्हयनाळें (2 फेब्रुवारी 1889-1894). पुणे.- सं. एदुआर्द ब्रून द सौज. (रोमी)

42. उदेव. म्हयनाळें (1976- ). मंगळूर.- सं. चा. फ्रा. डिकोस्ता. (कानडी)
43. उमाळे. म्हयनाळें (2008- ). गोंय.- सं. मार्कुस गोन्साल्वीस. (रोमी कानडी)
44. उर्बा. म्हयनाळें (1987- ). उर्बा प्रकाशन, फर्मागुडी गोंय.- सं. एन. शिवदास. (देवनागरी)
45. ऋतु. दु-म्हयनाळें (1969- ). मडगांव गोंय.- सं. चंद्रकांत केणी, प्रसाद मळकर्णेकार. (देवनागरी)
46. ऋतु. दु-म्हयनाळें (1982- ). कुळागर प्रकाशन, मडगांव गोंय.- सं. गोकुळदास प्रभु. (देवनागरी)
47. एकवोटावोरवीं उजवाड. पंद्रशी (1998- ). बिशप हाउस, उडूपी कर्नाटक.- (कानडी)
48. ओ आमिगो दी पावो गोवोनो. सातोळें (1919-). मुंबय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
49. उ आमिगो दी पावो. म्हयनाळें (1916-1920). पणजी गोंय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
50. उ एकू. साताळें (1897- ). मुंबय.- सं. जुजे कायतान फ्रान्सिस दि सौज (रोमी)
51. उ कोंकणी. साताळें (1892- ). मुंबय.- सं. सेबास्तियांव जेजुस फ्रान्सिस (रोमी, पुर्तुगेज)
52. उ गोवोनो. साताळें (1908- ). गोंय.- सं. होनाराटो, एफ. एक्स. फुर्तादो.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
53. उ टेम्पो. साताळें (1931-1951). पणजी गोंय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
54. उ पावो गोवानो. साताळें (1892-1895). मुंबय.- सं. सेबास्तियांव जेजुस दीयस (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
55. उ बॉंबायेन्से. साताळें (1901-1907). मुंबय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
56. उ लिबरल. साताळें (1895- ). कलंगूट गोंय.- सं. फ्रान्सिस झेविएर फर्नांडीस (रोमी, इंग्लीश, पुर्तुगेज)
57. उ लुज. साताळें (1890-1916). मुंबय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
58. उ लुसो कोंकाणी. सातोळें (1891-1894). मुंबय.- आलैश कायतान जुजे फ्रान्सिस (रोमी, पुर्तुगीज)
59. उ हेराल्डो. दिसाळें (1900- ). पणजी गोंय.- सं. आलेक्सिओ क्लेमेन्ते मेसियय

गोम्स (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश) (कोंकणी पुरवणी)

60. कणीक. पंद्रशी (1965- ). प्रकाशन, मंगळूर.- सं. रेमंड मिरांडा. (कानडी)
61. कलामाची. ति-म्हयनाळें (1983- ).- गोंय.- सं. सुश्रुत मार्टिन्स. (देवनागरी, मराठी)
62. कविता. म्हयनाळें (2012- ). माणिक प्रकाशन, केपें गोंय. (देवनागरी)
63. काकुळथिचो ताळो. म्हयनाळें (2019- ). कपूचिन, मंगळूर.- सं. पावल मेलविन. (रोमी, इंग्लीश)
64. काजुलो. म्हयनाळें (2005- ). मंगळूर (कानडी)
65. कातोलिक सवस्तकाय. म्हयनाळें (1907- ). मुंबय.- सं. रोलदांव नोरोज्ज (रोमी)
66. कानारा सारस्वत. पंद्रशी (1929- ). कानारा सारस्वत असोशिएशन, मंगळूर.- सं. स्मिता माविनकुर्वे. (कानडी, इंग्लीश)
67. किर्णां. म्हयनाळें (1986- ). राधाकृष्ण पब्लिकेशन, पेडणे गोंय.- सं. शशिकांत पुनाजी. (देवनागरी)
68. कीर्ण. म्हयनाळें (1985- ). मंगळूर.- (कानडी, पुर्तुगेज)
69. कुठमाचो सेवक. म्हयनाळें (2013- ). कपुचीन पब्लिकेशन ट्रस्ट, मंगळूर, .- सं. . (कानडी)
70. कुळागर. म्हयनाळें (1978- ). गोंय.- सं. प्रकाश थळी, चंद्रकांत केणी. (देवनागरी)
71. कॅथलीक इंडिया. म्हयनाळें (1938- ). मुंबय.- सं. फ्रान्सिस शावियेर ओलिव्हैर (रोमी)
72. कॅथलीक कोंकणी विकली. सातोळें (1937- ). मुंबय. (रोमी)
73. कॅथलीक सवस्तकाय. सातोळें (1908- ). मुंबय.- सं. रोडाल्वनो नोरोना (रोमी)
74. कोंकण किनारा. पंद्रशी (1929- ). मंगळूर.- (कानडी)
75. कोंकण जनता. म्हयनाळें (1972- ). गौड सारस्वत समाज, कोच्ची केरळ.- (देवनागरी, मळ्यालम)
76. कोंकण टायम्स. ति-म्हयनाळें (1978- ). बेती वेरें गोंय.- सं.तुकाराम शेट. (देवनागरी)
77. कोंकण डेज. म्हयनाळें (1958- ). मुंबय.- (कानडी)

78. कोंकण दायज. म्हयनाळें (1958- ). प्रकाशन, मंगळूर.- सं. ए. ए. सालढाना, जे. बी. मोराईश. (कानडी)
79. कोंकण दिवो. ति-म्हयनाळें (2008- ). गोंय.- सं. यशवंत पालेकर. (देवनागरी)
80. कोंकण दिवो. वर्सुकी (2023- ). कोंकण दिवो प्रकाशन, वास्को गोंय.- सं. अशोक चोडणकार. (रोमी)
81. कोंकण भारती. म्हयनाळें (1980- ). मंगळूर.- सं. यशवंत पालेकर. (देवनागरी)
82. कोंकण मेल. पंद्रशी (1996-1999). गोंय.- सं. जोस साल्वादोर फर्नांडीस. (रोमी, इंग्लीश)
83. कोंकण. म्हयनाळें (1974- ). पणजी गोंय.- सं. भारती यशवंत पालेकर. (देवनागरी)
84. कोंकणी जर्नल. सातोळें (1937- ). कराची.- सं. जे दे सौज (रोमी)
85. कोंकणी दिर्वे. पंद्रशी ( 1912-1940). मंगळूर, कर्नाटक. सं. लुईश मास्कारेन्हास. (कानडी) (कानडी लिपींतलें पयलें कोंकणी नेमाळें)
86. कोंकणी प्रदीप. म्हयनाळें (2005- ). कारवार, कर्नाटक. (कानडी)
87. कोंकणी बुलेटीन. दिसाळें (1932- ). मुंबय.- सं. आंतोनिय विन्सेन्त दे क्रुज (रोमी)
88. कोंकणी मॅगाझीन. म्हयनाळें (1912- ). मुंबय.- सं. जोआर्की इनासिस काम्पुस (रोमी)
89. कोंकणी युवक. म्हयनाळें (1949- ). मंगळूर.- सं. जॉर्ज फर्नांडीस. (कानडी)
90. कोंकणी विकास. पंद्रशी (1979-). केरळ.- सं. एन. पी. मल्लया. (देवनागरी, मळ्यालम, इंग्लीश)
91. कोंकणी विश्व. म्हयनाळें (ऑगस्ट 2023- ). कुलकर्णी पब्लिकेशन, साखळी गोंय. (देवनागरी)
92. कोंकणी. वर्सुकी (1962- ). कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय.- सं. अ. ना. म्हांबरे. (देवनागरी)
93. कोंकणीचें कुळार. म्हयनाळें (1981- ). धडें सावर्डें गोंय.- सं. आनंद मंगेश नायक. (देवनागरी)
94. क्रांतीसुर्य. वर्सुकी (1987- ). गोंय.- सं. एन. शिवदास. (देवनागरी)
95. गुलाब. म्हयनाळें (1983- ). गोंय.- सं. फादर फ्रेडी डा कोस्ता. (रोमी)

96. गुलिस्थान. साताळें (1924-1934). मुंबय. सं. जुवांव लाजरूस दे सौज (रोमी)
97. गोंयकार द गोवन आयडेन्टिटी. दु-म्हयनाळें (2008-2010). ओमकार प्रकाशन, कांदोळी गोंय. सं. तोमाझीन कार्दोज. (रोमी)
98. गोंयकार. सातोळें (1950- ). मुंबय. सं. एनियो पिमेन्ता. (रोमी)
99. गोंयकार. सातोळें (1979-1989). गोंय. सं. प्रभाकर तेंडुलकार. (देवनागरी)
100. गोंयकाराचो इश्ट. सातोळें (1963- ). मुंबय.- सं. रोमेव फर्नांडीस. (रोमी)
101. गोंयची किर्णा. सातोळें (1981).- गोंय.- सं. प्लान्टोन फारीया (रोमी)
102. गोंयचो आवाज. म्हयनाळें (1989- ).- पणजी गोंय.- सं. फ्रेडी जे डा कॉस्ता. (रोमी)
103. गोंयचो परजळ. वर्सुकी (1972-1982).- गोंय.- सं. जोवा इनासिओ डिसोझा (रोमी)
104. गोंयचो परमोळ. म्हयनाळें (1999-).- दालगादो कोंकणी अकादेमी, गोंय.- सं. तोमाझीन कार्दोज. (रोमी)
105. गोंयचो मोग. सातोळें (1977- ). गोंय.- सं. गुरूनाथ केळेकार. (रोमी)
106. गोंयचो साद. सातोळें (15 आगोस्त 1962-1968).- गोंय.- सं. फोलिस्यु कोर्दोज. (रोमी)
107. गोल्डन गोवा. सातोळें (1936- ). मुंबय.- (रोमी)
108. गोवन. वर्सुकी (1962- ). मुंबय.- सं. एम. फर्नांडीस, व्ही. शिरोडकार. (देवनागरी, इंग्लीश)
109. गोवाळमानक. वर्सुकी (1966- ). मुंबय.- सं. जुडास बारोस. (रोमी)
110. गोमंत भारती. सातोळें (1959- ). मुंबय.- सं. रवींद्र केळेकार (रोमी)
111. गोमंत. म्हयनाळें (1930- ). मुंबय.- सं. लुईस दोरीस द सिल्व (रोमी)
112. गोमंतक. सातोळें (1940- ). मुंबय.- सं. जुलियांव मिनेझीस (रोमी)
113. गोमंतसुर्य. सातोळें (1965- ). चिंचोणे गोंय.- सं. प्रभाकर मसुरेकर. (मराठी आनी देवनागरी)
114. गोवन ऑबझर्वर. दिसाळें (1932- ). मुंबय.- सं. जुवांव लाजरूस दे सौज (रोमी)
115. गोवन ओन मॅगझीन. म्हयनाळें (1932- ). मुंबय.- सं. लुईस दोरीस द सिल्व (रोमी)
116. गोवन हेराल्ड. सातोळें (1929- ). गोंय.- सं. आमादेव प्राझारेस दा कोस्ता (रोमी,

पुर्तुगेज, इंग्लीश)

117. गोवा आलमानाक. वर्सुकी (1966- ). गोंय.- सं. जूडास बारोस. (रोमी)
118. गोवा कामगार. साताळें (1939- ). मुंबय.- सं. दे. देसाय. (रोमी)
119. गोवा टायन्स. साताळें (1930- ). मुंबय.- सं. रेस्पिसिस आफोन्स (रोमी)
120. गोवा नोवा. सातोळें (1934- ). गोंय.- सं. सतीश आळवेंकार.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
121. गोवा न्होवा. साताळें (1936- ). गोंय.- सं. वेंकटेश आळवेंकार (रोमी)
122. गोवा मेल. सातोळें (1920- ). मुंबय.- सं. डॉ. वास्को दी गाम (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
123. गोवानिज. ति-म्हयनाळें (1950- ). कराची (रोमी, इंग्लीश, मराठी)
124. गोवापुरी. ति-म्हयनाळें (2011- ). इन्स्टिटूट मिनेझीस ब्रागांझा, पणजी गोंय.- (रोमी, इंग्लीश, हिंदी, मराठी)
125. चंदन. वर्सुकी (1995- ). अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, 11-12 फेब्रुवारी 1995, शिरसी कर्नाटक. (देवनागरी)
126. चवथ. वर्सुकी (2007- ). सुनापरांत, पणजी गोंय. (देवनागरी) (सुनापरांत दिसाळ्याचो विशेशांक)
127. चाबूक. सातोळें (1948- ). मुंबय.- सं. फाउस्तिना डायस (रोमी, इंग्लीश)
128. चित्रंगी. वर्सुकी (1978- ). गोंय.- सं. हेमा पुंडलीक नायक. (देवनागरी)
129. चिरपूट. ति-म्हयनाळें (2015- ). कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय.- (देवनागरी)
130. जाग. म्हयनाळें (1973- ). जाग प्रकाशन, मडगांव गोंय.- सं. रवींद्र केळेकार, माधवी सरदेसाय. (देवनागरी)
131. जाग-माग. पंद्रशी (1961- ). मंगळूर, कर्नाटक.- सं. चा. फ्रा. डिकोस्ता. (कानडी)
132. जिवीत एस जुवांव ब्रिताचें. सातोळें (1947- ). पिलार गोंय. (रोमी)
133. जिवीत. म्हयनाळें (1983- ). मंगळूर, कर्नाटक. सं. चा. फ्रा. डिकोस्ता. (कानडी)
134. जिवीत. म्हयनाळें (2006- ). कला निकेतन, मडगांव गोंय.- सं. मायकल ग्रासिएस. (रोमी)
135. जिवीताचो प्रकाश. म्हयनाळें (1994- ).- गोंय. (रोमी)

136. जैत. म्हयनाळें (1978- ). जैत प्रकाशन, खोर्ली गोंय.- सं. भिकू बोमी नायक. (देवनागरी)

137. ज्योत. वर्सुकी (2018- ). कोंकणी विभाग, सेंट झेविएर कॉलेज, म्हापसा गोंय. (देवनागरी)

138. ज्वाला. सातोळें (1946- ). गोंय.- (देवनागरी, पुर्तुगेज, मराठी, गुजराती)

139. झेलो. पंद्रशी (1956- ). मुंबय.- सं. जे. एस. आल्वारीस. (कानडी)

140. डिव्हायन व्हॉयस. म्हयनाळें ( 1996-). चलाकुडी केरळ.- सं. थॉमास जॉकब (रोमी)

141. डॉन बॉस्कोस मॅडोना. म्हयनाळें (1997- ). डॉन बॉस्को इंस्टिटूट, मुंबय.- सं. फादर गिवसेप्पे. (रोमी, इंग्लीश)

142. तुजें राज आमकां येंव. ति-म्हयनाळें (1941- ).पुणे.- सं. फादर जी. लोब (रोमी)

143. तेरेझाचे मागणेचो झेलो. म्हयनाळें (2021- ). चांदोर प्रकाशन, चांदोर गोंय. (रोमी, इंग्लीश)

144. त्रिवेणी. पंद्रशी (1978- ). मडगांव गोंय.- सं. चंद्रकांत केणी. (देवनागरी, हिंदी, मराठी)

145. द गोवन रिव्हिव्ह. दु-म्हयनाळें (1989- ). फाउस्टो व्ही दा कोस्ता, मुंबय. (रोमी, इंग्लीश)

146. दर म्हयन्याची रोटी. म्हयनाळें (1915- ). प्रोविन्सिएल सुपिरिअर ऑफ द जेजूइतस इन गोवा, गोंय.- सं. फादर विन्सेन्त लोबो. (रोमी) (सुर्वेक 1915 वर्सा सेन्ट पॅट्रिक चर्च, कराचींतल्यान उजवाडाक आयलें, उपरांत 1964 वर्सां गोवा वेल्हा, आनी आतां ओल्ड गोवा, गोंयच्यान प्रकाशीत)

147. दर्शन. म्हयनाळें (1992- ). कारवार डायोसीस कारवार, कर्नाटक.- (कानडी)

148. दिवटी. दिसाळें (1967- ). गोंय.- सं. हुगो डिसोजा. (पुर्तुगेज, रोमी)

149. दिवटी. म्हयनाळें (1920- ). केरळ कोंकणी अकादेमी, केरळ. (देवनागरी)

150. दिवो. साताळें (1995- ). मुंबय, मंगळूर.- सं. जे. बी. मोरायश. (कानडी, इंग्लीश)

151. दी आस्पिरंट. म्हयनाळें (1937- ). मुंबय.- सं. बेन्टो डिसोजा (रोमी)

152. दी गोवन रिव्हीव्ह. म्हयनाळें (1999- ). गोंय.- सं. फ्रास्टो व्ही डा कोस्ता.

(रोमी, इंग्लीश)

153. दोर. सातोळें (1914- ). कराची.- सं. फादर लुडोविको परेरा. (रोमी)

154. धरनू कोंकण. म्हयनाळें (1972-). गौड सारस्वत असोशिएशन, केरळ.- (देवनागरी, मळ्यालम)

155. नकेत्र. म्हयनाळें (1997- ). कोंकणी लिटररी फोरम, केपें गोंय.- सं. जे. सी. फर्नांडीस. (रोमी)

156. नबत. म्हयनाळें (1942- ). मडगांव गोंय.- सं. मनोहरराय सरदेसाय, प्रभाकर बोरकार. (देवनागरी)

157. नवकिट्टल. म्हयनाळें (2011- ). मंगळूर.- सं. मेलवीन रॉड्रीगीज. (कानडी)

158. नवयुग. म्हयनाळें (1940- ). कारवार. सं. सुबराव दत्तात्रय नाडकर्णी (देवनागरी)

159. नवें गोंय. ति-म्हयनाळें (1934-1937). गोमंतक प्रिन्टिंग प्रेस, मुंबय.- सं. काशिनाथ श्रीधर नायक. (देवनागरी)

160. नवें गोंय. पंद्रशी (1963- ). मडगांव गोंय.- सं. गुरुनाथ केळेकार. (रोमी)

161. नवें जिवीत. साताळें (1939- ). मुंबय.- सं. प्रो. ज्युस्तीज्य सौज. (रोमी)

162. नवें पर्व. वर्सुकी (1992- ). म्हायती आनी प्रसिद्दी विभाग, गोंय सरकार, पणजी गोंय. (देवनागरी, मराठी, इंग्लीश)

163. नवें पावल. म्हयनाळें (2003- ). मेरशीं फिगोरजेच्चें पत्र, गोंय. (रोमी, इंग्लीश)

164. निज गोवा. म्हयनाळें (1936-1959).- गोंय. (रोमी)

165. निज भारती. सातोळें (1931- ). बस्तोडें गोंय.- (रोमी, पुर्तुगीज)

166. निज भावर्थी. सातोळें (1929).- गोंय.- सं. प्रि. मार्कोस आन्तोनिओ गोम्स. (रोमी)

167. निर्माण. दु-म्हयनाळें (2015- ). सिद्देश कामुलकार, फोंडा गोंय. (देवनागरी)

168. पंचकाद्ययि. म्हयनाळें (1967- ). कोंकणी भाशोधरा ट्रस्ट, उडूपी कर्नाटक.- सं. बि. व्ही. बाळिगा. (कानडी, देवनागरी)

169. पडबिंब. म्हयनाळें (2009- ). गोंय.- सं. आवरेलिओ विएगस. (रोमी)

170. पनवार. म्हयनाळें (2022- ). कोंकणी भाशोधरा ट्रस्ट, मणिपाल.- (देवनागरी, कानडी, इंग्लीश)

171. पयणारी. पंद्रशी (1950- ).- मंगळूर.- सं. चा. फ्रा. डिकोस्ता. (देवनागरी,

कानडी)

172. परझळ. म्हयनाळें (1981- ). –गोंय.- सं. रोमीओ गुदिनो. (रोमी)
173. परमळ. म्हयनाळें (1964- ). प्रकाशन, केपें गोंय.- सं. सुहास दलाल. (देवनागरी)
174. पुढारी. साताळें (1998- ). पणजी गोंय.- (रोमी)
175. पुनव. म्हयनाळें (1973- ). सोबित साहित्य, गोंय.- सं. सुरेश काकोडकार. (देवनागरी)
176. पेडण्याचो ढोल. म्हयनाळें (1988- ). हरमल पेडणे गोंय.- सं. उदय देशप्रभू. (देवनागरी)
177. पॉप्युलर मॅगझीन. म्हयनाळें (1919- ). मुंबय. सं. जोआर्की जुजे सिलव्हेस्त्रि दे सौज (रोमी)
178. पोरजेचो आदार. म्हयनाळें (1930-1958). म्हापसा गोंय. (पुर्तुगेज, रोमी)
179. प्रकाश. पंद्रशी (1938- ). मंगळूर.- सं. द कोस्त (कानडी)
180. प्रकाश. साताळें (1975-).- गोंय.- सं. एवरिगो जॉर्ज. (रोमी)
181. प्रजेचो आवाज. साताळें (1947- ). गोंय.- सं. बाकीबाब बोरकार. (देवनागरी)
182. प्रतिबिंब. वर्सुकी (2019- ). राजहंस संकल्पना प्रा. लि., पणजी गोंय. (देवनागरी)
183. फन्तेम डावन. म्हयनाळें (1993- ). सांताकृझ पॅरिश, कालापूर गोंय. (रोमी, इंग्लीश)
184. फुडारी. सातोळें (2018- ). गोंय, कतार, कुवेट.- सं. जोस साल्वादोर. (रोमी)
185. बालयुग. दु-म्हयनाळें (1963- ). प्राथमिक शिक्षक संघ, पणजी गोंय.- सं. सुरेश बोरकार. (देवनागरी, मराठी, हिंदी, इंग्लीश)
186. बिम्ब. म्हयनाळें (2000- ). बिम्ब प्रकाशन, आगशी गोंय.- सं. दिलीप बोरकार. (देवनागरी)
187. बोंबाइन्स. सातोळें (1901- ). मुंबय.-(रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)
188. भगवान आंद्रेचो उलो. म्हयनाळें (2003- ). गोवा वेल्हा गोंय. (रोमी, इंग्लीश)
189. भांगरभूंय. दिसाळें (15 जूलै 2016- ). पणजी गोंय. सं. पुंडलीक नायक (देवनागरी)
190. भागेवंत जेरोमाचो संदेश. म्हयनाळें (1986- ). सेन्ट जेरोम चर्च, म्हापसा गोंय.-

सं. डेनिस फर्नांडीस (रोमी, इंग्लीश)

191. भागेवंत रिताचो परमळ. ति-म्हयनाळें (2010- ). सेंट रिटा चॅपेल, कुडचडे गोंय. (रोमी, इंग्लीश)

192. भुरगीं आनी राजहंस. दु-म्हयनाळें (1992- ). राजहंस वितरण, पणजी गोंय. (देवनागरी)

193. भुरग्यांलो देस. ति-म्हयनाळें (2013- ). भुरग्यांलो देस प्रकाशन, कुडतरी गोंय. (देवनागरी)

194. मांडवी. म्हयनाळें (1945- ). पणजी गोंय.- सं. पांडुरंग भांगी. (देवनागरी)

195. मारूती. म्हयनाळें (1976- ). मडगांव गोंय.- सं. गुरूनाथ केळेकार. (देवनागरी)

196. मार्ग बुलेटीन. म्हयनाळें (1998- ). राय सालसेत गोंय.- सं. गुरूनाथ केळेकार (देवनागरी, मराठी, इंग्लीश)

197. मार्ग. दु-म्हयनाळें (2016- ). सं. गुरूनाथ केळेकार, मडगांव गोंय. (देवनागरी, मराठी, इंग्लीश)

198. मिश्र. म्हयनाळें (1953- ). मुंबय.- सं. जे. एस. अल्वारीस. (कानडी)

199. मीर्ग. पंद्रशी (15 ऑगस्ट 1953-1955). वर्धी महाराष्ट्र.- सं. रवींद्र केळेकार. (देवनागरी)

200. म्हजें मॅगझीन. पंद्रशी (1936- ). मुंबय.- सं. जोआकीं रोजारीय द सिल्व (रोमी)

201. युवक विचार. वर्सुकी (1986- ). अपुर्व पब्लिकेशन, सावय वेरें गोंय.- सं. संजीव वेरेंकार. (देवनागरी)

202. युवा टायम्स. अर्द-वर्सुकी (2010- ). युवा टायम्स, तळावली फोंडा गोंय.- गौराज तळावलीकार (देवनागरी)

203. येमिग्रंट. म्हयनाळें (1934- ). मुंबय.- सं. इनासिस कायतान कार्वाल्य (रोमी)

204. रंगराज. वर्सुकी (1983- ). प्रकाशन, सांताक्रुज गोंय.- सं. भरत नायक. (देवनागरी)

205. राखणो. साताळें (1938- ). दिप्ती ट्रस्ट, मंगळूर.- सं. सिल्वेस्टर मिनेझीस, जॉन मिनेझीस, अलेक्झेन्डर डिसोजा, मार्क वाल्देर, विन्सेन मिनेझीस, सॉमुयेल सिकेरा, एरिक क्रॅस्टा, फ्रान्सिस रॉड्रीगीस, वालेरीन फर्नांडीस, रुपेश अशोक माधा. (कानडी)

206. राष्ट्रमत. दिसाळें (15 ऑगस्ट 1963- ). नवगोमंत प्रकाशन, मडगांव गोंय.- सं.

चंद्रकांत केणी. (मराठी, देवनागरी)

207. रिनेलल नवसोर्नी रिनोवाची. म्हयनाळें (1952- ). डायोसेसिएन सेंटर फॉर सोशिएल कमीशन, पणजी गोंय. (रोमी, इंग्लीश)

208. रोमी कुरपेची कीर्णा. म्हयनाळें (2013- ). अवर लेडी ऑफ ग्रेस, मडगांव गोंय. (रोमी, इंग्लीश)

209. लामणदिवो. वर्सुकी (2007- ). दामोदर प्रकाशन, मोर्ले कुडचडें गोंय. (देवनागरी)

210. लेखक. वर्सुकी (2014- ). गौरीश वेर्णेकार, गोंय.- सं. सुफला गायतोंडे (देवनागरी, इंग्लीश)

211. लैतुरास आमेनास. सातोळें (1893- ). मुंबय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)

212. लोकसाद. म्हयनाळें (1968-1969). गोंय.- सं. फेलिसिओ कार्दोजो. (रोमी)

213. वांगडी. म्हयनाळें (2000- ). गोंय.- (देवनागरी)

214. वांगडी. वर्सुकी (1982- ). प्रकाशन, मेरशी गोंय.- सं. वामन रामनाथ नायक. (देवनागरी)

215. वांगुआरर्ड. दिसाळें (1954-1958). पणजी गोंय.- (रोमी, पुर्तुगेज)

216. वाज गोवानो. सातोळें (1930- ). मुरगांव गोंय.- सं. एस. एस. वाज (रोमी, पुर्तुगेज)

217. वाज दी मुर्मुगांव. अर्द-सातोळें (1932- ). मुरगांव गोंय.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)

218. वावुरड्यांचो इश्ट. सातोळें (20 डिसेंबर 1933- ). (पयलो संपादपी - फादर जो फ्रान्सिस फर्नांडीस, पयलो अंक मडगांव, उपरांत राशोल सेमिनारी (1940), आनी सोसायटी ऑफ पिलार, गोंय (1944- )

219. विज. ई-म्हयनाळें (7 फेब्रुवारी 2018- ). शिकागो अमेरीका.- सं. ऑस्टीन प्रभू. (कानडी, इंग्लीश)

220. विदा. सातोळें (1963- ). मडगांव.- (रोमी, पुर्तुगेज, इंग्लीश)

221. विशाल कोंकण. पंद्रशी (1961- ). मंगळूर.- सं. चा. फ्रा. डिकोस्ता. (कानडी)

222. व्हायस ऑफ गोवा. म्हयनाळें (1936-1959). गोंय. (रोमी, इंग्लीश वावराडी. (- ). (रोमी)

223. व्हेनेरावेल पाद्री जुजे वाज. म्हयनाळें (1932- ). गोंय.- सं. निकोलाव जुझे

मिनेझीस (रोमी)

224. शणै. म्हयनाळें (1980- ). मडगांव गोंय.- सं. वासुमती वेलिंगकार. (देवनागरी)
225. शब्दुल. म्हयनाळें (1979- ). शब्दुल प्रकाशन, बेती वेरें गोंय.- सं. तुकाराम शेट, अशोक मणगुतकर . (देवनागरी)
226. शिला. म्हयनाळें (2005- ). सावय वेरें गोंय.- सं. अशोक शिलकार. (देवनागरी)
227. शेनाय. म्हयनाळें (1980- ). प्रकाशन, वेलींग गोंय.- सं. वसुमती वेलींगकार. (देवनागरी)
228. संगीन. म्हयनाळें (1980- ). प्रोग्रेसीव स्टुडन्ट युनियन, पणजी गोंय. (देवनागरी, मराठी)
229. सत उलय. सातोळें (1950- ). मुंबय.- सं. जे. एम. डिसोजा. (रोमी)
230. सत. सातोळें (1949- ). मुंबय.- सं. जे. एल. आरावजो. (रोमी)
231. सत. सातोळें (1962-1967). मडगांव गोंय.- सं. फोलिसियु कार्दोज. (रोमी)
232. समाजाचो दिवो. पंद्रशी (1938- ). मंगळूर.- सं. माशाद (कानडी)
233. सरस्वती प्रभा. म्हयनाळें (1994- ). अरगोडू सुरेश शेणाय.- हुबळी. (कानडी)
234. सर्वादय. पंद्रशी (1950- ). कारवार.- सं. (कानडी)
235. सांगाती. म्हयनाळें (1934- ). मुंबय.- सं. ए. पी. मार्ट्रेयर्स. (रोमी)
236. सांजेचें नकेत्र. म्हयनाळें (1907- ). मुंबय.- सं. बी. एफ. काब्राल. (रोमी)
237. सांत इस्तेवाची फिगोजेची जाप. म्हयनाळें (2013- ). सांत इस्तेंव गोंय. (रोमी, इंग्लीश)
238. साद. ति-म्हयनाळें (1952-1954). कोंकणी भाशा मंडळ, मुंबय.- सं. मनोहरराय सरदेसाय. (देवनागरी)
239. सान सानुली. म्हयनाळें (2002- ). भारतीय कला अकादेमी, गोंय.- सं. शाम वेरेंकार. (देवनागरी)
240. सारस्वत बोधिनी. सातोळें (1923- ). सारस्वत ब्राह्मण परिषद, केरळ (मळ्यालम)
241. सारस्वत भूषण. म्हयनाळें (1943-). केरळ. (देवनागरी, मवयालम)
242. सारस्वत मित्र. म्हयनाळें (1932-). केरळ.- (देवनागरी, मलयालम)
243. सारस्वत युथ. म्हयनाळें (1969-). एरनाकुळम केरळ.- (मलयालम)
244. सारस्वत वाणी. सातोळें (1965- ). गौड सारस्वत समाज, कोलकूट, केरळ

(देवनागरी)

245. सारस्वत. सातोळें (1941- ). मंगळूर.- सं. के. वासुदेव शणै (कानडी)

246. साळीक. म्हयनाळें (1955- ). मुंबय.- सं. नारायण देसाय, शंकर भंडारी. (देवनागरी)

247. सासाय. स-म्हयनाळें (2019- ). कोंकणी विभाग, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव गोंय.- सं. किरण बुडकुले . (देवनागरी) (सहकर्मी-समिक्षाकृत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका)

248. साहिती. वर्सुकी (1968- ). अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिषद, मडगांव.- (कानडी)

249. साहित्य चेतना. ति-म्हयनाळें (2021- ). साहित्य मंथन, सत्तरी गोंय.- सं. काशिनाथ नायक. (देवनागरी, मराठी)

250. साहित्य विचार. अर्द-वर्सुकी (1983- ). साहित्य विचार, बेतकी गोंय.- सं. उमाकांत शेटये. (देवनागरी)

251. साहित्य. म्हयनाळें (1968- ). अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, मडगांव गोंय.- (देवनागरी, कानडी)

252. सिने टायन्स. सातोळें (3 डिसेंबर 1963-25 नोव्हेंब्र 1995). मुंबय.- सं. फ्रान्सिस शावियेर ओलिव्हॅर (रोमी)

253. सुख-दुख. सातोळें (1948-1954). मुंबय.- सं. जी. एम. बी. रॉड्रीगीस. (कानडी)

254. सुनापरान्त. दिसाळें (13 मे 1987- 1 आगोस्त 2015 ). साळगांवकार प्रकाशन, गोंय.- सं. चंद्रकांत केणी, उदय भेंब्रे, राजू नायक, संदेश प्रभुदेसाय, अनंत साळकार, बाबली नायक. (देवनागरी)

255. सेन्ट एनेक्स बुलेटीन. अर्द-वर्सुकी (2016- ). सेन्ट एनेक्स चर्च, फोंडा गोंय.- सं. आंतोनियो डिसोजा प्रोयांका (रोमी, इंग्लीश)

256. सेन्ट एन्स टेन्परन्स मॅगाझीन. म्हयनाळें (1912- ). मुंबय.- सं. फादर सी. दीयस (रोमी)

257. सोद. म्हयनाळें (2000- ). थॉमास स्टिफन्स केंद्र, पर्वरी गोंय.- सं. मॅथिव्ह आल्मेदा (देवनागरी, इंग्लीश)

258. सौंगडी. म्हयनाळें (1981- ). पणजी गोंय.- सं. दामोदर घाणेकार. (देवनागरी)

259. स्पन्दन. म्हयनाळें (2012- ). केरळ कोंकण अकादेमी, कोच्ची, केरळ.- सं. सुरेश शेणै. (देवनागरी)
260. हरयाळी. वर्सुकी (1983- ). माशेल गोंय.- सं. फादर फ्रेडी जे डा कोस्ता. (देवनागरी)

**म्हायतीचें विश्लेशणः**

### कोश्टक 1 – कोंकणी नेमाळीं उजवाडाक येवपी वाठार

| गोंय | महाराष्ट्र | | | कर्नाटक | | | | | केरळ | कराची (पाकिस्तान) | केनया | शिकागो (अमेरीका) |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | वर्धा | मुंबय | पुणे | मंगळूर | उडूपी | कारवार | मणिपाल | बेळगांव | | | | |
| १३८ | १ | ६४ | २ | २८ | २ | ५ | १ | २ | १२ | ३ | १ | १ |

वयर दिल्ल्या कोश्टका प्रमाण चडशीं कोंकणी नेमाळीं गोंय (138), उपरांत महाराष्ट्र (67), कर्नाटक (38), केरळ (12) ह्या भारतांतल्या राज्यांनी, तशेंच कराची, केनया, आनि शिकागो ह्या भायल्या शारांनी लेगीत उजवाडाक आयल्यांत.

### कोश्टक 2 – कोंकणी नेमाळीं उजवाडाक येवपाचें स्वरूप

| दिसाळें | सातोळीं | पंद्रशी | म्हयनाळें | दु-म्हयनाळें | ति-म्हयनाळें | अर्द-वर्सुकी | वर्सुकी | **एकूण** |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| ९ | ६७ | २३ | ११० | ८ | १४ | ५ | २४ | २६० |

वयर दिल्ल्या कोश्टकांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण कोंकणी म्हयनाळ्यांची संख्या (110) अदीक आसा. ते उपरांत सातोळीं (67), वर्सुकी (24), पंद्रशी (23), ति-म्हयनाळीं (14), दिसाळीं (9), दु-म्हयनाळीं (8), आनी अर्द-वर्सुकी (5) असो क्रम लागता.

### कोश्टक 3 – कोंकणी नेमाळीं उजवाडाक येवपाचो काळ

| काळ | नेमाळ्यांची संख्या |
|---|---|
| एकोणिसावें शतक | ११ |
| १९०० ते १९६१ (गोंय मुक्ती वर्स) | १०३ |
| १९६२ (गोंय मुक्ती वर्सा उपरांत ते १९७४) | ३४ |
| १९७५ (कोंकणींक साहित्य अकादेमीन मान्यताय दिल्लें वर्स) ते १९९१ | ४१ |
| १९९२ (कोंकणींचो संविधानाच्या आठव्या वळेरेंत आसपाव जाल्लें वर्स) ते २०२३ | ७१ |

वयर दिल्ल्या कोश्टका प्रमाण कोंकणींत गोंय मुक्ती पयलीं उजवाडाक येवपी नेमाळ्यांची संख्या (103) अदीक आसा.

## कोश्टक 4 – कोंकणी नेमाळ्यांची लिपी

| लिपी | देवनागरी | रोमी | कानडी | मळयालम | अरेबीक |
|---|---|---|---|---|---|
| | ९५ | १३० | ४२ | ७ | ० |

वयर दिल्ल्या कोश्टका प्रमाण कोंकणीत उजवाडाक येवपी चडशीं नेमाळीं भोवभाशीक आसात. तातूंतली चडांत चड नेमाळीं रोमी लिपींत (130) उजवाडाक येतात, ते उपरांत देवनागरी (95), कानडी (42), मलयालम (7) असो क्रम लागता, अरेबीक लिपींत एकय नेमाळें ना.

## कोश्टक 5 – एका परस चड भाशांनी उजवाडाक येवपी नेमाळीं

| कोंकणी/इंग्लिश | कोंकणी/पुर्तुगेज | कोंकणी/मराठी | कोंकणी/हिंदी | कोंकणी/गुजराथी |
|---|---|---|---|---|
| ५१ | २९ | १५ | ३ | १ |

नेमाळीं एक वा अदीक भासांनी उजवाडाक येतात. तांका भोवभाशीक नेमाळीं म्हणटात. कोंकणीचो विभाग आशिल्लीं आनी हेर भाशांनी उजवाडाक येवपी नेमाळ्यांची संख्या वयल्या कोश्टकांत दिल्या. ते प्रमाण सगल्यांत चड इंग्लीश (51), ते उपरांत पुर्तुगेज (29), मराठी (15), हिंदी (3), आनी गुजराथी (1) असो क्रम लागता.

## कोश्टक 6 – नोंदणी केल्लीं कोंकणी नेमाळीं

| वर्स | दिसाळीं | सप्तकी | पंद्रशीं | म्हयनाळीं | ति-म्हयनाळें | वर्सुकीं | हेर | एकूण |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| २०१४-१५ | १ | ० | ० | १ | ० | ० | ० | २ |
| २०१५-१६ | ० | १ | ० | १ | ० | ० | ० | २ |
| २०१६-१७ | १ | ० | १ | १ | ० | ० | ० | २ |
| २०१७-१८ | २ | ० | १ | १ | ० | ० | ० | ४ |
| २०१८-१९ | २ | ० | १ | १ | ० | ० | ० | ४ |
| २०१९-२० | ४ | ४ | ० | १२ | २ | ० | ० | २२ |
| २०२०-२१ | ४ | ४ | ० | १२ | २ | ० | ० | २२ |
| २०२१-२२ | ४ | ४ | ० | १२ | २ | ० | ० | २२ |

स्त्रोतः रजिस्ट्रार ऑफ न्युजपेपर फॉर इंडिया

वयर दिल्ल्या कोश्टका प्रमाण नोंदणीकृत कोंकणी नेमाळ्यांची संख्या 2019-20 ह्या अर्थीक वर्सा सावन एकदम वाडून 22 जाल्या.

**निश्कर्शः**

कोंकणी भास आनी साहित्याच्या उदरगतींत नेमाळ्यांक खूब म्हत्व आसा. 1889 ह्या वर्सा पुणे शारांतल्यान उजवाड आयिल्लें उदेंतेचें साळक हें कोंकणींतलें पयलें नेमाळें. ते उपरांत आयजमेरेन 260 कोंकणी नेमाळीं उजवाडाक आयल्यांत. गोंय मुक्ती पयलीं 114 तर ते उपरांत 146 नेमाळीं उजवाडाक आयलीं. कोंकणी नेमाळीं फकत गोंयांत न्हय तर महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ, तशेंच भायल्या देशांतल्यान लेगीत उजवाडाक येतात. चडशीं कोंकणी नेमाळीं रोमी लिपींत उजवाडाक आयल्यांत. उजवाडाक येवपी काळाचो विचार केल्यार कोंकणींत म्हयनाळ्याची संख्या अदीक आसा, तर दिसाळ्यांची संख्या उणी आसा. चडशीं कोंकणी नेमाळीं भोवभाशी आसात, तातूंत रोमी-इंग्लीश नेमाळीं अदीक आसात. बरीचशीं कोंकणी नेमाळीं रजिस्ट्रार ऑफ न्युजपेपर फॉर इंडिया ह्या संस्थेकडेन नोंदणीकृत ना.

000

## References


- Goa Konkani Akademi. (2023, December 21). Konkani Magazines. Retrieved from Goa Konkani Akademi: https://konkaniakademi.goa.gov.in/english/konkani-magazines/
- Moraes, J. B. (2007, October 5). A Brief History of Konkani Periodicals. Retrieved April 22, 2024, from The Mail Archieve: https://www.mail-archive.com/goanet@lists.goanet.org/msg17939.html
- Prabhudesai, S. (2019, November 16). Contributions of Konkani Periodicals in Literature. Retrieved April 22, 2024, from SCRIB: https://www.scribd.com/document/435247274/Periodicals-in-Konkani
- Registrar of Newspapers for India. (2023). Press in India (2021-2022). New Delhi: Office of Registrar of Newspapers for India, Government of India.
- Reitz, J. M. (2004). Dictionary for library and information science. Westport, Conn.: Libraries Unlimited.
- Rodrigues, V. (2013). Konkani: The Script Controversy. Economic and Political Weekly, 48(31). Retrieved 3 2013
- Sardessai, M. (2000). A History of Konkani Literature: From 1500 to 1992. New Delhi: Sahitya Akademi.

- Scholberg, H. K. (1982). Bibliography of Goa and the Portuguese in India. New Delhi: Promilla & Co. Publishers.
- आनंदन, ए. ए. (1995). केरळांत कोंकणी पत्रकारिता. चंदनः अखिल भारतीय कोंकणी परिशद 11-12 फेब्रुवारी 1995.
- करमली, न. (2003). कोंकणी नेमाळीः एक इतिहासिक नियाळ. In श. स. वेरेंकार (Ed.), कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय (pp. 363-374). मडगांवः कोंकणी भाशा मंडळ.
- नायक, ज. (Ed.). (2016). अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचीं अध्यक्षीय भाशणां. पणजी: अखिल भारतीय कोंकणी परिशद.
- नायक, र. न. (1980). कोंकणीच्यो कांय समस्या. 13 वी अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिषद स्मरणिका. मुंबयः अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिषद .
- मोरास, प. (2007). जागरण - कोंकणी चळवळीचो दुसरो ग्रंथ पत्रिकोद्यमाचो पयलो वाटों. मंगळूरः कोंकणी संस्थो.
- वर्दे वालावलिकार, श. (Ed.). (2003). समग्र शणै गोंयबाब खंड 1. बोरीः गोवा कोंकणी अकादेमी आनी इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा.
- शणै वर्दे वालावलिकार, व. र. (1942). येवकार अध्यक्षांचे उलोवप. In समग्र शणै गोंयबाब खंड 1. बोरीः गोवा कोंकणी अकादेमी आनी इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा.
- सरदेसाय, म. (Ed.). (1991). कोंकणी विश्वकोश (Vol. 1 ते 4). ताळगांवः गोवा विश्वविद्यालय.